## *तीन कवित्रां दरियाचीं*

**– सु. म. तडकोड**

(१)

ल्हारांच्या दोळ्यांत
फातोड्डेचें दारं
न्हिद्सुरें पद
दरियाच्या पार

(२)

परमळून आयल्या कूड तुजी
कवीत रचपाचो खीण आयला
उजवाडाक जांबूळसार स्पर्श
जातकच, दर्या-गाज मोनो जाला

(३)

मोनी कविता कुपाळटा
सुस्कार दिता ऋतुमती
उतरांक दर्या बादला
आंकुरल्या काळिज-माती